Akashwani Panaji 12th April 2026 National news 8.40 am

* बिहारांतल्या कटिहार जिल्ह्यांत रस्तो अपघातांत मरण आयिल्ल्यान राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दुख्ख उक्तायलां.

* विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर संयुक्त अरब अमीरातांत दोन diसांचा भेटीर आसात.

* सरकारान डिझेलाचेर निर्यात कर दर लिटराक 21 रुपया .5 पैशे आशिल्लो तो 55.5 रुपया मेरेन वाडयला.

* अस्तंत बंगालांत विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचाराक नेट आयला

मोदी 140

भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल सत्ताधारी तृणमूल काँग्रेसीचेर नेटान हल्लाबोल केलो .Byte TMC

तांच्या १५ वरसांच्या राजवटीन बंगालच्या प्रत्येक नागरिकाच्या मनात भ या शिवाय कायच दवरले ना, असो आरोप त्यांनी केलो. काल पश्चिम बंगालात कटवा हांगा एका जाहीर सभेत उलयताना प्रधानमंत्री मोदी हाणी राज्यातल्या राजकीय हिंसाचारात सहभागी आशिल्यांचेर भाजप कडक कारवाई करतलो अशे सांगले. बेकायदेशीर स्थलांतरितांक मदत करप्यांक सोडचेना अशेय ताणी म्हणाले.

राज्यात भाजपच्या सभाक जावपी प्रचंड गर्दी ही ४ मे क अपेक्षित आशिल्या निकालांची झलक आसा अशे सांगून पश्चिम बंगाल बदला खातीर सज्ज आसा असो दावो तानी केलो. ज्या भागांनी बायलांनी

व्हडा संख्येन मतदान केले, थय भाजपाक लक्षणीय यश मेळले अशे ते उलयले. तृणमूल काँग्रेस सरकारच्या काळात व्हडा प्रमाणात भ्रष्टाचार जाल्याचो आरोप करत, भाजप पत्रिका प्रसिद्ध करतलो , अशे तानी म्हणाले.

Pm 93

बिहारांतल्या कटिहार जिल्ह्यांत रस्तो अपघातांत मरण आयिल्ल्यान राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दुख्ख उक्तायलां. सोशल मिडियाचेर राष्ट्रपती मुर्मू हांणी दुख्ख पर्गातायले आनी जखमी लोकांक बेगीन बरे जावचें अशें मागणें केलें. उपराष्ट्रपती हांणीय बाधित कुटुंबांक दुख्ख उक्तायलें आनी जखमी लोकांक बेगीन बरे जावचें अशी प्रार्थना केली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कटिहारांतली ही अपघात त्रासदायक आसा अशें म्हणलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत तांणी दुख्ख उक्तायलें आनी जखमी लोकांक बेगीन बरे जावपाची इत्सा उक्तायल्या. तशेंच प्रधानमंत्रीच्या राष्ट्रीय आदार निधींतल्यान दोन लाख रुपयांची अनुग्रहाची घोशणा तांणी केल्या.

Bihar 124

बिहारांत कटिहार जिल्ह्यांत रस्तो अपघातांत 13 जाणांक मरण आयलां आनी जायते जाण जखमी जाल्यात. काल सांजवेळा सुमार 6 वरांचेर राष्ट्रीय म्हामार्ग 31 वयल्या कोढ़ा ब्लॉकांतल्या बासगधा चौका लागसार हो अपघात जालो. सगल्या जखमींक कोढ़ा प्राथमीक भलायकी केंद्र आनी पूर्णेया वैजकी म्हाविद्यालयांत उपचारा खातीर दाखल केल्यात. थळाव्या

लोकांच्या म्हणण्या प्रमाण झारखंडांतल्यान पिकअप गाडयेंतल्यान भक्तांचो पंगड धर्मीक विधी पुराय करून परतून पूर्णेयाक वतालो. उरफाटे दिकेन येवपी वेगान वचपी बशी पिकअपांत धपको दिल्ल्यान अपघात जालो. कटिहाराचे पुलीस अधीक्षक शिखर चौधरी हांणी हे घडणुकेची म्हायती दिल्या. ह्या दुख्खद रस्तो अपघातांत मरण आयिल्ल्यान मुख्यमंत्री नीतीश कुमारान खोलायेन दुख्ख उक्तायलां. मुख्यमंत्र्यानी मरण अयील्ल्यांचा कुटुंबांक मुख्यमंत्री मजत निधींतल्यान दरेकीं 2 लाख रुपया एक्स ग्रेटिया दितले अशें जाहीर केलें. जखमींक 50 हजार रुपया अर्थीक मजत दितले.

Jaishankar 189

विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ले तणाव मदी भारतीय नागरिकांच्या कल्याणा विशीं उंच पतळेची उलोवणी करपाक संयुक्त अरब अमीरातांत दोन दिसांचा भेटीर आसात.हे भेटी वेळार dr s जयशंकर हांणी शेनवारा युएईचे उपप्रधानमंत्री आनी विदेश वेव्हार मंत्री शेख अब्दुल्ला बिन जायद अल नहयान हांची भेट घेतली आनी थंय विकसीत जावपी प्रादेशिक परिस्थिती आनी ताचे परिणामचेर चर्चा केली. भारतीय समाजाची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर युएई सरकारान दिल्ल्या आदाराची विदेश वेव्हार मंत्र्यान तोखणाय केली, जाल्यार दोनूय वटांनी दोनूय देशां मदल्या व्यापक रणनिती भागीदारीचो खोलायेन नियाळ घेतलो. मंत्री जयशंकर हांणी अस्तंत आशियांतल्या संघर्शा मदीं भारत सरकारान तांच्या सुरक्षे खातीर केल्ल्या यत्नांचेर ते उलयलें. तशेंच ह्या कठीण काळांत थळाव्या समाजांत तांणी दिल्ल्या योगदानाची तोखणाय करून, भारतीय समाजाचें कल्याण सुनिश्चीत करपाक युएई सरकारान दिल्ल्या आदाराचीय ताणी तोखणाय

केली.11 आनी 12 एप्रीलाक जावपी भेटींत, सहकार्याचो नियाळ घेवप द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपाचो हेतू आसा अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान कळयला. केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांचे वांगडा आखाती राश्ट्रांक विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकराची ही भेट भारताची उर्जा सुरक्षा घटमूट करपाच्या यत्नांतलो एक भाग आसा अशेंय मंत्रालयान नदरेक हाडलां.

govt

सरकारान डिझेलाचेर निर्यात कर दर लिटराक 21 रुपया .5 पैशे आशिल्लो तो 55.5 रुपया मेरेन वाडयला. विमान टर्बाइन इंधनाचेरूय शुल्क 29.5 रुपया दर लिटरांतल्यान 42 रुपया मेरेन वाडयला अशी म्हायती अर्थ मंत्रालयान दिल्या. मजगतीं, पेट्रोलाचेर निर्यात कर शून्य उरतलो.

Wb118

अस्तंत बंगालांत विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचाराक नेट आयला .सगळ्या मुखेल राजकी पक्षांतले वरिश्ठ फुडारी जिल्ह्यांतल्यान रॅलींत उलोवप करतात . प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी हांणी काल जंगीपूर, कुशमंडी आनी कटवा हांगा तीन रॅलीत मार्गदर्शन केलें . तशेंच सिलीगुरींतल्या बिहार मोरे ते स्टेशन मोरे मेरेनच्या रोडशोंत प्रधानमंत्री वाटेकर जाले.अस्तंत बंगालांतल्या बांकूरा आनी पुरुलिया हांगाय भाजपाचो वरिश्ठ फुडारी आनी घर मंत्री अमित शाहा रॅलींत उलोवप केलें. राज्य सरकाराच्या कर्मचाऱ्यांक राज्यांत सत्तेर आयले उपरांत 45 दिसां भितर सातव्या पगार आयोगाचे फायदे मेळटले अशें तांणी सांगलें. मजगती तृणमूल कॉंग्रेसीच्यो मुखेली ममता बॅनर्जी हांणी बांकूरा, अस्तंत मिदनापूर आनी झारग्राम हांगा भौशीक रॅलींनी उलोवप केलें. 294 वांगड्यांची अस्तंत बंगाल विधानसभे खातीर 23 एप्रील आनी 29 एप्रीलाक दोन पांवड्यानी मतदान जातलें.

sonowal

केंद्रीय बंदरां, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी , भारतीय जहाज जॅग विक्रम हें 24 भारतीय कामगारांनी इराणी आखाताच्या वाठारांतल्यान येसस्वीपणान भायर सरलें अशे सांगला. सोशल मिडिया पोस्टांत सोनोवाल हांणी म्हायती दिल्या की कार्गो 20 हजार चारशें 12 मेट्रीक टन एलपीजी व्हरता आनी ते ह्या म्हयन्याच्या 15 तारखेक येवपाचे आसा .

Sadhna 185

साधना सप्तक २०२६ त 3.18 कोटी वयर अभ्यासक्रम पुराय जाल्ल्याची नोंद जाल्या, जी मिशन कर्मयोगी खाला धा पटींनी वाड जाल्या. ह्या म्हयन्याच्या 2 ते 10 तारखे मेरेन जाल्ले हे मोहिमेक लागून , नागरिक केंद्रीत आनी सक्षमतायेचेर आदारीत नागरी सेवा पर्यावरण प्रणाली उबारपाची सरकाराची वचनबद्धताय बळकट जाली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी व्हिडियो संदेशा वरवीं ताचें उक्तावण केलें, तांणी सरकारी कार्यकर्त्यां मदीं सतत शिकप आनी क्षमता निर्माण करपाचेर भर दिलो.

Imd 58

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, गुजरात, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या वाठारांनी उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्तिथी आसतलीअशे सांगला .

sports

आशियाई कुस्ती सर्तींत किर्गिस्तानांतल्या बिश्केकांत जाल्ल्या दादल्यांच्या 65 किलो आनी 70 किलो फ्रीस्टाइल सर्तींत भारताचो सुजीत कल्कल आनी अभिमन्यो मंडवाल हांणी भांगरा पदकां जिखली.

Partun ek favt aycho . Mukhel khabro

* बिहारांतल्या कटिहार जिल्ह्यांत रस्तो अपघातांत मरण आयिल्ल्यान राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दुख्ख उक्तायलां.

* विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर अस्तंत आशियांत संयुक्त अरब अमीरातांत दोन diसांचा भेटीर आसात.

* सरकारान डिझेलाचेर निर्यात कर दर लिटराक 21 रुपया .5 पैशे आशिल्लो तो 55.5 रुपया मेरेन वाडयला.

* अस्तंत बंगालांत विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचाराक नेट आयला